


# माडवळे

- मिलिंद म्हामल

# माडवळे

मिलिंद म्हामल

**माडवळे (कोंकणी कथासंग्रंह)**
**मिलिंद म्हामल**

**Madwale (Konkani Short Stories)**
Milind Mhamal

पयली उजवाडावणीः डिसेंबर २०२२

First Edition: December 2022

© लेखक

© Author

***प्रकाशक:***

**मिलिंद म्हामल,**
**जी-३, वृंदावन क्लासिक हाऊसिंग सोसायटी,**
**आल्तो बेला विस्ता, लेन 4C**
**सांगोल्डा बार्देश गोवा. ४०३५११**
**भ्रमणध्वनीः ९८२२५८०७८९**

***Publisher:***

**Milind Mhamal,**
**Vrindavan Classic Housing Society, Alto-Bela Vista,**
**Lane 4C, Sangolda,**
**Bardez Goa. 403511**

**प्रकाशन क्रः 4**

**Publication No. 4**

**मुखपृश्ठः कालिदास म्हामल**

**Cover Page: Kalidas Mhamal**

**छापपीः एरिअल प्रिंट, गोवा वेल्हा गोंय**

**Printer: Ariel Prints,**
**Goa Velha, Goa**

**मोलः २००/- रुपया**

**Price: Rs. 200/-**

**ISBN** 978-93-5780-126-3

# पेडणेचे बोलयेन समृद्ध जाल्ली कोंकणी कथा

मिलींद म्हामल ह्या लेखकान आपलो पयलो मराठी कथा संग्रह *चवथ* 2005 वर्सा उजवाडा हाडिल्लो. विशय वेगळे. आशय वेगळे. संवादांतली भास वेगळी. कितें तरी वेगळें सांगपाची तांक ह्या लेखकाकडेन आसा म्हणपाची सुलूस तांच्यो त्यो कथा वाचतक लक्षांत आयिल्लें. ताचे उपरांत तांचो *अलकण्याचो डोंगर* (2008) आनी मागीर *मांड* (2014) हे कथा संग्रह म्हज्या वाचनात आयले.

थळावी सामजवेवस्था, संस्कृतीक आनी राजकीय प्रस्न, विवीध समस्यांच्या राशीर बशिल्लीं थंयचीं मनश्यां, तांची बदलती मानसिकता, थंयचो निरागस सैम आनी त्या सैमाचो मनश्यान केल्लो नाश हाची बारिकसाणेन केल्ली पारखणी तांच्या ह्या कथांनी पळोवंपाक मेळटा. आनीक एक म्हत्वाची गजाल तांच्या मराठी कथेची विशेशताय जावन मुखार आयल्या ती म्हणल्यार कथेंतले संवाद. हे संवाद पेडणेची बोली भशेंत आसात.

वयल्या तीन मराठी कथा संग्रहा उपरांत हो लेखक आतां *माडवळे* (2023) कथा संग्रहाच्या रुपान कोंकणी साहित्याच्या मळार पावल दवरता. मराठी कथेचे तुळेन कोंकणी कथा साहित्याक नवें कितें दिलां? ह्या प्रस्नाची जाप मराठी वाचक सोदतले. तशेंच कोंकणी कथेक वेगळें कितें मेळ्ळां? हाचो सोद कोंकणी वाचक घेवपाचो प्रयत्न करतले. आदीं मराठींत बरयल्ल्यो आनी संगर्हांत उजवाडा आयिल्ल्यो तांच्यो कांय कथा कोंकणी आंगलें चडोवन हांगां आयल्यात. अशें आसलें तरी थळावे भाशेचो केल्लो प्रयोग विचारांत घेतलो जाल्यार म्हामल हाची ही कोंकणी कथा निश्चीतूच उजवी थारतली हातूंत दुबाव ना.

पेडणें म्हालांतले कोंकणी कथा बरोवपी संतोष महाले आनी शशिकांत पुनाजी एका काळार कथा लेखन करताले. तांच्यानीय आपली कथा आपले बोलयेंत बरयल्यात. “कुळागर” आनी “जाग” म्हयनाळ्यांत तांच्यो त्यो कथा वाचपाक मेळटाल्यो. मुखार तांतूत खंड पडलो. उजवाडा आयिल्ल्या ह्या कथांचें संकलन जाल्लें पळोवंक मेळना. मुखार मंगशे परसाई हो तरणाटो आपली कथा

घेवन आयलो. आतांच्या युवकांमदीं अव्दैत साळगांवकार हो आपली कथा पेडणेचे बोलयेंत बरयता. कथेच्या मळार हें योगदान सोडलें जाल्यार पेडणे वाठारांत कथा लेखन खूब कमी प्रमाणांत जालां. अशे हे फाटभुंयेर मिलींद म्हामल हांचो *माडवळे* हो कथा  संग्रह प्रकाशीत जावप ही आमचे खातीर आनंदाची गजाल.

सर्जन साहित्य लेखना खातीर निवडिल्ली भास सोडून मुखार दुसरी एकादी भास आपणावप हें तशें सहज घडना. लेखकाक ते भाशे विशीं दिश्टावो घडचो पडटा. एक आंतरीक इत्सा मानात तयार जावंची पडटा. आपले घेतिल्ले भुमिके कडेन ठाम रावचें पडटा. मराठी कडल्यान कोंकणी असो प्रवास हाचे पयलीं जाला. अश्यो बऱ्योच देखी आमच्या गोंयांत आसात. वयर उल्लेख केला तशें मिलींद म्हामल आपले मराठी कथेंतले संवाद कोंकणीत बरयताले. आतां निवेदना सयत पुराय कथा कोंकणींत कथन केल्ल्यान अभ्यासकांचें लक्ष ओडून घेतलां.

आपल्या पांया पोंदची  तांबडी माती, सरभोंवतणचीं निरागस अबोल मनशां, हांगची सैमीक विविधता, कदीम काळा पासून चलत आयिल्ली लोकसंस्कृती आनी परंपरेन सदांच जिबेर घोळपी आपली निजाची बोली भास लेखकाक खऱ्या अर्थान घडयता. हेंच ताचें खरे बळ आसता. लेखना फाटली स्फुर्त आसता. म्हामल ह्या लेखकाक पेडणे सारको सुंदर वाठार फाव जाला. ती ताची जल्मभूंय. पेडणे म्हणल्यार "मागास" अशें  एका काळार समिकरण जाल्लें. एक काळ आशिल्लो, गोंयांतलो पेडणें हो म्हाल विकासा पासून पयस उरिल्लो. अपुऱ्यो साधन सुविधा हें ताचें फाटलें एक कारण. पूल, रस्ते, महाविद्यालय आनी रोजगाराच्यो संधी हाचे पासून ह्या वठारांतले लोक वंचीत आशिल्ले. ही  स्थिती आतां उरूंक ना. आयज थंयचे कर्तुत्वी हात सगळ्यांक दिश्टी पडटात. राजकीय मळारूय हो वाठार आतां मुखार पावल घालपाक लागला.

एक वेळ आशिल्लो बीच ट्यूरीझम हो साश्टी, तिसवाडी आनी बार्देस तालुक्या पुरतो मर्यादीत आशिल्लो.  आतां ताचो विस्तार जावन सकयल दक्षिणेक काणकोण तें वयर उत्तरेक पेडणें मेरेन पावला. ह्याच कारणांक लागून  पेडणें

तालुक्यांत भायल्यांची रीघ वाडल्या. पेडणेचो सैम सुंदर वाठार पर्यटकांक भुरळ घालता. मोपा हांगां जाल्ल्या आतंराष्ट्रीय विमानतळाक लागून समाजीक, अर्थीक आनी राजकीय परिस्थितींत जाल्लो  बदल स्पश्ट दिसपाक लागला. ह्या स्थित्यंतरांची लेखक नोंद घेता आनी  थळाव्या लोकांचे बदलते  मानसिकतेक हळुवार स्पर्श करता.

जायते फावट उदरगत दारांत येवन उबी रावता. ती नव्यो संधी घेवन येता. पारंपारीक धंद्यात आतां राम उरूक ना ही भावना मनात किल्लून येता. मेळत ती नोकरी करपाची मानसीतका आनी पर्यटणाक लागून धंदो करपाची मेळिल्ली संद ह्या कारणांक लागून शेतां कसपाचीं बंद जातात. दुसरे वटेन माफियांक लागून अचकीच जमनीचें वाडिल्लें मोल. पयश्याचे आशेन जमनीचें जाल्लें कायद्या भायलें रुपांतरण. थळावे दोंगर विकले. परप्रांतीय आनी परदेशी लोक येवन गांवांत धंदो करपाक लागतात आनी थळाव्यांची गोची जाता. “रान” कथेंत बामणाचो दोंगर दिल्लीच्या एका बिल्डराक विकता. जाल्यार “सेटींग”  हे कथेंत गांव वाठारातली जमीन भायल्या लोकांक कशे तरेन विकता हाची देख पळोवंक मेळटा. मागीर गांवांत  सुरू जाता ती सोरो आनी  शिंदळकी. राया ही व्यक्ती खापऱ्यांक मॉटरसायकली भाड्यान दिता.  पर्यटका खातीर  टॅक्सींची सोय जाता. दर्यादिगेर रेस्टॉरंटां उबीं रावतात. सर्वसामान्यातलो  राया हीं सगळीं कामां करता. ताका पळवाटो खबर आसात. पयशे घेवन तो मनशां जमयता. गोल्फ कोर्स करपा खातीर जमीन विकता. काजींच्या रेनाक उजो घालता. ही मनश्याची वृत्ती आनी प्रवृत्ती. दोनूय हातानी धरपाक जायना तितले पयशे हातांत येतकच ही मानसिकता अदीक बळावता.

ह्या कथा संग्रहांतली “आडवण” ही आनीक  एक म्हत्वाची कथा. दोंगराचें आडवण एका काळार कुलकर्ण्यान हडप केल्लें. आतां पंचवीक वर्सा जाल्यांत थंय कोण रावनात. गांवचे भुरगे थंय आशिल्ल्या भाटांत आडसरां खावंक वतात. धनंजय फटीचीं कागदां तयार करून आडवण  भलत्याकूच विकता. मुखार थंय हॉटेल उबें जाल्ल्यान आडवन हें नांव वचून तें पांडववन जाता. लोक

अधिश्टाण फावो जाल्ल्या थळांचें पर्यटणाच्या नांवा खाला बदल जाल्ल्यो अश्यो देखी गोंयांत साबार कडेन दिश्टी पडटात.

भायली अडेची संस्कृती गांवांत भितर सरतकच नवीं वेसना घरांत चलून येतात. ड्रग्साचो विळखो तरणाट्यांच्या गळ्याक पडपाक लागता. समृद्ध जिवना कडेन वचपाची वाट बदं जाता. ह्या सगळ्यांतल्यान निर्माण जाता तो भायलो आनी भितरलो संघर्श. मालमत्तेची वाटणेक लागून घरांतल्या नात्यामदीं क्लेश वाडपाक लागतात. नातीं पयसावतात. शेजार धर्माक वेर वयता आनी स्वार्थाक लागून तांचे मदले तंटे वाडत वयतात. असले साबार प्रस्न म्हामल वाचकां मुखार मांडटा आनी विचार करपाक लायता.

“गंगाळाचो बांध” हे कथेंत वडाच्या झाडाचे म्हत्व लेखकान अधोरेखीत केलां. लोक गांवातल्या त्या झाडाची पुजा करतात. थंय नाटक सादर करतात. धालो खेळटात. लोकसंस्कृतीक अधिश्टान फावो जाल्लें त्या थळा कडेन आतां पर्यटक हिप्पी बसून ध्यान करपाक लागतात. कांय काळा उपरांत थंय ड्रग्स विकतात. मुखार पिकनिकेच्या निमतान थंय गर्दी जाता. नाका जाल्ल्यो गजाली थंय घडत वयतात आनी एक दीस तो वड हुमटून पडटा... सैमाचें जाल्लें विद्रुपीकरण कितलें घातक आनी मनाक चटको दिवपी आसता हाची सुलूस दिवपी ही कथा.

मुळाव्या लोकअधिश्टानाक लागून स्वयंभू समाजवेवस्था आकाराक आयिल्ली आसता. त्या समाजवेवस्थेक पोशक अशें समाजमानस तयार जाल्लें आसता. हे समाजवेवस्तेंतली दुसरी एक बाजू म्हळयार सामाजीक विशमता आनी विसंगती. जितले व्यक्ती तितल्यो वृत्ती... हाच्यो देखी ह्या कथा संग्रहातल्या कथानी आमकां पळोंवक मेळटा. एक गोरी आनी उरिल्ल्यो चारूय चलयो काळयो आशिल्ल्या कांती हे अस्तुरेचो जिवनभोग “शेकडेकारणीचो पांडव” हे कथेंत लेखकान मांडला. आपल्याक चलो भुरगो जावंचो म्हूण नाणीज बाबाच्या दर्शानाक वचप. पळून गेल्लें चली गुरवार जावन परत घरांत येवप. “थोरली” हे कथेंत तीन म्हयनें सांगातान रावून आपले बायलेक सोडून मुंबय वयता आनी थंयच

दुसरें लग्न जाता. चाळीस वर्सां उपरांत आपलो घोव मेला म्हण कळटकच कांकणां फोडून ती अस्तुरी रडटा. मृत्यु पत्रांत दुसरे बायलेच्या नांवार केल्ली प्रोपर्टी आनी मुखार वाटणी... जाल्यार "पोसकी आवय" हे कथेंत घोव पंढरपूराक वयता तो परत येना. ताका सोदपाक बायल वयता आनी तिवूय थंय शेणटा. गुरू करून संवसाराची वाट कशी लागता ताचेर लेखक आपलें भाश्य करता आनी ताचे वायट परिणाम समाजा मुखार दवरता. नायकीणीचे संगतीत लागून कांय दादले आपलें सगळेंच शेणोवन बसतात (बॉब), सर्वसामान्यांची पिळवणूक करपी थळाव्या पत्रकारांचीं (पत्रेकार) रुपडीं काडून वास्तव रूप उक्ताडार हाडटा. अश्या अनेक भेडसावपी प्रस्नांच्यो जापो लेखक सोदता आनी आमकां चिंतपाक लायता.

जिवनात येवपी बदल हे अपेक्षीत आसता. जेन्ना मानवीमुल्ल्यांचो ऱ्हास जाता तेन्ना मात पांया पोंदची जमीन सरकपाक लागता. कृशी आनी गो संस्कृतायेचें नंदनवन आशिल्ल्या आमच्या गोंयांत गायक पान दवरपाक तिका आतां सोदपाची पाळी आमचेर आयल्या. हाचे इतलें दुर्देव आनीक कितें आसतलें? हांगां आवय शेण सोदता. शारांतलीं गोरवां हांगां थंय भोंवून प्लास्टीक खातात. "गोशाळा" कथेंत हें सगळें वाचपाक मेळटा.

थळावे लोकसंस्कृतायेचें बदलतें स्वरूप आनी तिच्या विद्रूपीकरणातल्यान किल्लून आयिल्ली नवी धवाडी संस्कृताय ह्या कथा संगहाचें केंद्र जालां. आमचें मुळावें दायज सोडून आमी खंयचे वाटेन चलपाक लागल्यात? हो संग्रह वाचतकच अश्या असंख्य प्रस्नाच्यो जापो वाचक सोदपाक लागता.

"माडवळे" हे कथेंतली शोकांतीका तर वेगळीच आसा. दर्या आनी दर्यावेळ आतां थळाव्या लोकांची उरूक ना. गजबजिल्ल्यो ह्यो दर्यावेळो आतां व्हर्जीन उरूक नात. हॉटेल, शॅक आनी हेर वेवसायीकांच्या चपक्यांत वचून पडल्यात. दर्यावेळेर सर्वसामान्यांक मेकळेपणान भोंवपाक मेळना. भरतेच्या वेळार दर्याचे वेळेर मेळपी माडावळे काडपाक हे भायले वेवसायीक आक्षेप घेवपाक लागल्यात. ही आमची शोकांतिका. दुसरे वटेन कोवीड काळांत जाल्ल्या मरणाची अवतिकाय सांगपी म्हत्वाची कथा म्हणल्यार "मरणकाळ" कथा. कोविडान

मेल्ल्या मनशाच्या मड्यालागीं कोण वचनात. मरण कोणें करचें होच प्रस्न सगळ्या मुखार येवन उबो राविल्लो. लागिंची मनश्यां लेगीत निमण्या दर्शना पासून जाणिवपुर्वक पयस रावपाक लागलीं. बदलत्या जाणिवांच्यो ह्यो कांय कुरवो. अश्या ह्या कथांतल्यान लेखक तत्कालीन प्रस्नांचेर बोट दवरता तें पळोवंक मेळटा.

सुरवेक म्हणलां तशें, समृद्ध बोली भाशेच्या परमळान भरिल्लो *माडवळे* हो कथा संग्रह कोंकणी कथा साहित्यांत आपली वेगळी अशी सुवात निश्चीतूच तायर करतलो अशी आस्त आसा.

**- डॉ. प्रकाश पर्येंकार**

# मनोगत

हांव खंयच्या भाशेंत बरयता? हो प्रस्न जसो म्हाका सतायता, तसोत तो टिकाकारांक लेगीत पडटा. कथेचो विचार करताना हो प्रस्न तर सदांच येता. आतां मेरेन चडशे कथा हांवे मराठींतल्यान बरयल्यात. पूण तातूंतली निवेदनाची भास सोडली तर कथेंतल्या पात्रांचें सगलें संवाद पेडणेंच्या कोंकणी शैलींत आसात. कोंकणीचो चड वापर करता म्हण ताचेर टिकाय जाता. पूण हे संवादच म्हजे खाशेलेपण आनी म्हज्या कथांचो आत्मो आसा. संवाद काडले तर बाकी कायच उरचें ना, म्हण हांवें ताचे मराठीकरण करूंक ना. गोंयचें लोक, मागीर ते पेडण्यातलें आसू वा बारदेसांतले, कोंकणीच उलयतात. तांच्या तोंडातली भास बदलली तर मागीर खंयचेंच भाशेक अर्थ ना. कथेंत राम ना. तशें केल्यार तें ओडून तांणून केल्या सारकें. मराठींत लेखन करताना हे मर्यादा येतात.

खरें तर म्हजी कथा बरोवपाची सुरवात कोंकणींतल्यान जाल्या. खूब वर्सां पयलीं  भौ. उदय देशप्रभू *पेडण्याचो ढोल* नांवाचें कोंकणींतल्यान मासिक काडटालो. तातूंन म्हजें सुर्वेचें लेखन जालां. त्या उपरांत १७ आनी १८ फेब्रुवारी १९८९ ह्या दिसा अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें १० वें साहित्य संमेलन पेडण्यांत जालें. त्या निमतान जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी कथा लेखन सर्तींत म्हज्या *बॉब* ह्या कथेक पयलें इनाम फावा जाल्लें. पूण त्या उपरांत म्हालगड्यानी आमची दखल घेतली ना वा साहित्य संम्मेलना उपरांत कोंकणी लेखनाचो जाय तसो प्रसार पेडणे तालुक्यांत जालो ना. *सुनापरांत* लेगीत चुकूनच वाचपाक मेळटालो. हांव मराठींतल्यान बरोबपाक लागलो. पूण दुसऱ्या भाशेंत कथा बरयतानाय मूळ तशेंच रांवलें. कोंकणींची प्रमाण भास आनी आमच्या पेडण्याच्या कोंकणींत व्हड फरक आसा, म्हणून, ह्या कथासंग्रहांतलें सगले कथा सभाविकपण येवचें म्हण निवेदना सकट पेडण्याच्या कोंकणींत बरयल्यात. वाचकानी ताची योग्य ती दखल घेवचीं.

गोंयांत जावपी बदलाचो हांवय साक्षीदार आसा. विकासाच्या नांवाखाला सैमाचो जाल्लो इबाड सदांच दिश्टी पडटा. राजकारण, समाजकरणाचे दरेकल्याचे वेगवगळे व्याख्या. तरेतरेचे व्यक्ती आनी तितलेच तांचे प्रवृत्ती. कथेंतल्यान हांवेंन तें फकत माजे पद्दतीन मांडपाचो यत्न केला. जाणे ताणे तातूंतल्यान बोध घेवचो. वाचकानी आनी समीक्षकानीं कथेची मोलावणी करचीं.

जे लोक सगल्या भाशेंतलें साहित्य वाचतात तांकाच साहित्याचें खरें मोल कळटा. डॉ. प्रकाश पर्येकार सरान म्हज्या साहित्याची सदांच दखल घेतल्या. कोंकणींतल्यान म्हजें कथा येंवचें हें तांका सदांच दिसताले. ह्या कथा संग्रहाचें श्रय तांकाच आसा.

**मिलिंद म्हामल**

# मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| १. | माडवळे | ११ |
| २. | शेकडेकारनीचे पांडव | २३ |
| ३. | थोरली | ३१ |
| ४. | पोसकी आवय | ३८ |
| ५. | गोलकारनीचो कुवेटकार | ४७ |
| ६. | पॉटांतलें गजाली | ५८ |
| ७. | गोशाळा | ६६ |
| ८. | रान | ७८ |
| ९. | नरकासूर | ८६ |
| १०. | बॉब | ९६ |
| ११. | सेटींग | १०८ |
| १२. | गंगाळाचो बांद | ११६ |
| १३. | आडवन | १२२ |
| १४. | पत्रेकार | १३० |
| १५. | मरणकाळ | १४१ |